**गृह आधार आनी डीएसएस मजत दर म्हयन्याच्या 10 तारखेक लाभधारकांच्या बँक खात्यात जमा जातली- मुख्यमंत्री**

ता. 10 मार्च 2026

चालू म्हयन्यासावन गृह आधार आनी दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजणेची मजत दर म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन कसल्याय विलंबाबगर लाभधारकांच्या बँक खात्यात जमा करतले, जेणे करून लाभार्थ्यांक अदीक पारदर्शकता, सोयीस्करपणान आनी वेळार मजत मेळटली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान आयज बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री विश्वजित राणे आनी समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांच्या उपस्थितीत गृह आधार आनी दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजणेच्या गोंयांतल्या 2.24 लाखां वयर लाभार्थ्यांच्या बँक खात्यात एका क्लिकावरवीं 45.26 कोटी रुपया जमा केले.

ह्यो येवजण्यो कुटुंबां, बायलां, जाण्टे नागरिक, विधवा आनी हेर असुरक्षित घटकां खातीर सामाजिक सुरक्षा दिता. अशों येवजण्यो सरकारच्या अंत्योदय धोरणाच्या वचनबद्धतेची गवाय दिता, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. येवजण्यांचो नियमित लाभ घेवपा खातीर लाभार्थ्यान दर वर्सा 1 एप्रिल ते 30 मे ह्या काळात जीणे दाखलो आनी उत्पन्न दाखलो सादर करपाचे आवाहन मुख्यमंत्र्यांन केले. दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजणेविशीं कसलीय अडचण आसल्यार समाज कल्याण खात्योच्यो सहाय्यक संचालक श्रीमती रश्मी राऊळ हांचे कडेन 9322066078 ह्या नंबराचेर आनी गृह आधार येवजणे खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याच्यो समाज कल्याण अधिकारी श्रीमती कृतिका मांद्रेकर हांचे कडेन 9284238500 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. दिली.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री विश्वजित राणे हांणी सांगलें, सरकार लोकांच्या कल्याणाखातीर आशिल्ल्यो विविध येवजण्यो आनी धोरणांचो लाभ नागरिकांक वेळार मेळोवन दिवपाचो यत्न करता, जेणे करून राज्यातल्या प्रत्येक व्यक्तीच्या जीणेत हांसो येवचो.

ह्या वेळार गृह आधार आनी दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजणेच्या नवीन नोंदणी केल्ल्या लाभार्थ्यांक मंजुरी पत्रां भेटयली.

समाज कल्याण संचालक श्री दीपक देसाय, बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालक श्रीमती ज्योती देसा. आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/171

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.